Panaji Regional 13th September 2025 7.25am

CM - 155

केंद्रीय भु विज्ञान मंत्रालयाच्या Indian national centre of ocean information services आनी गोंय विद्यापीठाच्या school of earth ocean and atmospheric science आनी national disaster management authority हांच्या मदी काल दर्यादेग आनी आपत्ती वेवस्थापनावीशी संशोधन करपाच्या हेतान कबलात जाल्या. दर्यांत घडपी सैमीक आपत्ती वीशी ह्या संशोधनावरवी म्हायती मेळप सोपे जातले, हांतुतल्ल्यान गोंयच्या दर्यादेगेची राखण जातली. नुस्तेमार, दर्यादेगेर आशील्ले गांव, पर्यटकांची राखण करपा खातीर प्रगत सल्लो आनी डेटा ह्या संशोधनावरवी मेळटले अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. CM BYTE

गोंय विद्यापीठावतीन दर्याच्या खंच्या भागात चड नुस्ते आसा ताची म्हायती दीवपी खासा एॅप गोंय विद्यापीठ तयार करता अशे, ह्यावेळार उलयतना गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू हरीलाल मेनन हांणी म्हणले. ह्या ॲपाचो गोंयच्या रापणकारांक फायदो जातलो अशी म्हायती तांणी दील्या.

ह्यावेळार indian national centre of ocean information service चे संचालक दोतोर बालाकृश्णन नायर, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. ह्या कार्यावळी उपरांत marine multi hazard services for the indian coastline ह्या वीशयाचेर परीशद जाली. ह्या कार्यावळीत गोंय विद्यापीठाच्या विद्यार्थ्यांसयत नौदळ,coast guard, बंदराचे अधिकारी,नुस्तेमार खाते,तशेंच बिगर सरकारी संघटनाच्या प्रतीनीधीनी वाटो घेतील्लो.

---------------------------

CM Police – 80

पिडीतांचो त्रास उणो जावपा सयत गुन्यावकार सुटपाक जाय ना जाल्यार पुलीस, अभियोक्ते आनी हेर संबंधीतांमदी समन्वय आसपाक जाय. समन्वय नासत जाल्यार गुन्यावकार सुटतात, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. चवकशी वा तपास योग्य तरेन जावन गुन्यावकार सुटपाक जाय ना, म्हूण कायद्याविशी प्रशीक्षण दिवप गरजेचे थारता, अशेंय तांणी म्हणले.

तीन नव्या कायद्याविशी पुलीस, अभियोक्ते आनी फॉरेन्सीक अधिकाऱ्यांक प्रशीक्षण दिवपी कार्यावळ जाली. तीनूय खात्याच्या मेळोन 65 अधिकाऱ्यांक

प्रशीक्षण दिले. पणजे आल्तिनार जाल्ले कार्यावळीच्या समारोपाक मुखेल सोयरे म्हूण मुखेलमंत्री हाजीर आशिल्ले.

------------------------

सुरक्षा सप्तक - 80

येरादारी संचालनालयाच्या फोंडा विभागान आयोजीत केल्ल्या रस्तो सुरक्षा सप्तक कार्यावळी निमतान काल फोंडा कुट्टी वाठारांत जागृतायेच्यो तरेकवार कार्यावळी जाल्यो. ह्या निमतान श्री अमेय विद्याप्रसारक मंडळ उच्च माध्यमीक शाळेच्या विद्यार्थ्यां खातीर आनी दादा वैद्य हायस्कुलाच्या विद्यार्थ्यां खातीर निबंद आनी चित्रकला सर्त आयोजित केल्ली. यशस्वी सर्तकांक येरादारी संचालनालयाच्या फोंडा विभागाचे सहाय्यक संचालक राजेश नायक आनी सहाय्यक येरादारी निरिक्षक भार्गव कोर्डे हांणी इनामां दिली. अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य सुभाष जाण , दादा वैद्य हायस्कूल मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील ह्या वेळार हाजीर आशिल्यो.

------------------------------------

Mapusa – 115

बोडगिणी, म्हापश्यां 350 एमएम तांकीच्या स्तलांतरीत उदकाच्या पायपाचें भितरलें कनेक्शन जोडणीचें काम मंगळारा 16 तारखेर पेयजल पुरवण खातें सुरू करतलें. हाका लागून त्या दिसा आसगांव, हणजूण- कायसूव, पर्रा, हडफडें- नागवा ह्या पुराय पंचायत वाठारांत तशेंच कळंगूटेच्या कांय वाठारांनी मर्यादीत उदकाची पुरवण जातली.

सध्या म्हापशें ते कळंगुटेवेल्या गांधी चौक ते बोडगिणी मजगतीं रस्तो रुंदीकरणाचें काम सुरू आसा. बोडगिणीच्या साकवा कुशीक आशिल्लें उदकाचें पायप खात्यान कांय अंतराचेर स्तलांतरीत करपाचो निर्णय घेतला. ही सुमार 15 ते 20 मीटर अंतराचीं पायपां स्थलांतरीत जातलीं. ह्या उदकाच्या पायपांक भितरल्यान कनेक्शन दितले. हें काम खातें मंगळारा 16 सप्टेंबराक एका दिसान करतलें. हाका लागून ह्या दिसा वयर दिल्ल्या गांवांनी मर्यादीत उदकाची पुरवण जातली, अशी भौशीक नोटीस पेयजल खात्याच्या कार्यकारी अभियंत्या वतीन जारी केल्या.

-------------------------------

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 30 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24 degrees celcius इतले आसतले.

---

Gasper Dias TT – 30

कल्ब टेनीस द गास्पार डायस, गोंय टेबल टेनीस असोसियेशनच्या जोड पालवान अखील गोंय मुखेल मानांकन टेबल टेनिस सर्त १७ तें २१ स्प्टेंबर मजगतीं घडोवन हाडतली. ही सर्त मिरामार क्लबाच्या संकुलांत जातली.